आकाशवाणी पणजी

24/11/2025

प्रादेशिक खबरो

7.20 pm

<u>मुखेल खबरो</u>

- सहित स्टुडीयो निर्मित घर ह्या कोंकमी लघुपटाचे स्क्रिनिंग आयज इफ्फीत जाले
- आयज सेंट फ्रांसिस झेवियराच्या पयल्या नोव्हेनात गोंय तशेच भोवतं च्या राज्यांतल्या शेंकड्यांनी भक्तांनी उर्बेउमदिन वांटो घेतलो
- येणावळ कर विभागाच्या तपाससंचालनालयाच्या अधिकाऱ्यां खातीर डिजिटल फॉरेंसिकाचेर 5 दिसांच्या प्रशिक्षण कार्यावळीचें उक्तावण आयज फोंडच्या एनएफएसयू गोवा कॅम्पसात जाले
- राष्ट्रीय आयोगान देशभरांत संकश्टांत आशील्या बायलांक बेगोंबेग मदत दिवपा हेतान बायलां खातीर नवो हेल्पलायन क्रमांक - 1 4 4 9 0 - सुरू केला

सहित स्टुडीयो वतीन निर्मित घर ह्या कोंकमी लघुपटाचे स्क्रिनिंग आयज इफ्फीच्य गोवा विभागावरवी जाले. ह्यानपयली सहित स्टुडियो वतीन पाच सिनेमा इफ्फीत दाखयल्यात. जाल्यार अंदुचो घर हो विंशय घर म्हणजे फकत चार वणटीची वास्तु न्ही जाल्यार मनसापासत जीव आशिल्ले घर कशे आसता त्य विशयाचेर भाश्य करता. ह्या सिनेमात मुखेल भुमिकेत रावी किशोर, तशेचं रोहित खांडेकार हांणी भुमिका साकारल्यात, जाल्यार किशोर अर्जुन हांणी ह्या लघुपटाचे दिग्दर्शन केला.

सिनेमात बाल कलाकार शार्दुल बोरकार, विकास कासलीवाल हांणी भुमिका साकारल्यात.रवींद्र येमपाडा हांणी ह्या नेमाखातीर सिनेमेटोग्रापी केल्या जाल्यार नामनेचे गायक सिंधुराज कामत हांणी ह्या सिनेमाक खातीर पाश्वसंगीत गायला. सिनामाचे पुराय चित्रीकरण गोंयात जाला.

माज्गती भारताच्या 56व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या दर एक दिसा नवे विचार, म्हत्वाचे निर्णय, आनी संवसारीक सहकार्याची संद निर्माण करपाक लागल्या. आंतरराष्ट्रीय सर्ती, सांस्कृतीक प्रदर्शनां, मास्टरक्लास, खाशेले श्रद्धांजली आनी उर्बेभरीत वेव्स फिल्म वेव्स फिल्म बाजार हांचो आस्पाव आसा.

आयज सेंट फ्रांसिस झेवियराच्या पयल्या नोव्हेनात गोंय तशेच भोवतं च्या राज्यांतल्या शेंकड्यांनी भक्तांनीउर्बे उमदिन वांटो घेतलो. ह्यावेळार फादर मायरन बारेटो हांणी नोव्हेनावीशी चड म्हायती दीली.
नोव्हेनाची मिसा सकाळीं आनी सांजवेळां आसतलीं. णव दीसाच्या ही मिसा बंदखणीतल्या कैद्याखातीर प्रार्थना तशेंच मनीस स्वत जीणेतल्या ज्या वेगवगळया बंधनात अडकला तातुन देवान मार्ग दागोवचो ह्या संकल्पनेचेर निंबुन आसा.

दुग्ध शेतकारांचे प्रलंबीत आशिल्ले प्रस्न सोडोवपा खातीर फाटल्या सत्तावन वर्सां सावन बोरी-शिरोडा वाठारांतल्या दुग्ध उत्पादन क्षेत्रांत काम करपी शिरोडा सहकारी दुग्ध वेवसाय संघटणेन हालींच आपयल्ले दुग्ध शेतकार आनी संबंदीत सरकारी अधिकाऱ्यांचे खाशेले जोडबसकेक बरो प्रतिसाद मेळ्ळो.
राज्य सरकाराच्या कामधेनू येवजणे खाला गाय/म्हशी खरेदी करपा खातीर दुग्ध शेतकारांकडल्यान रीण मंजूर करचे पयलीं संबंदीत बँकेच्या शेअर आनी फिक्स डिपॉझिटांत पयशे दिवपाच्यो अटी रद्द करच्यो अश्यो सुचोवण्यो वेगवेगळया सहकारी दुग्ध संघटनेच्या अध्यक्षनी हाजीर आशिल्ल्या अधिकाऱ्यांक क्केल्ल्यो. राज्यांत दुदाचें उत्पादन वाडोवपाच्या हेतान फाटल्या पांच म्हयन्यां सावन दुद शेतकारांक आदार दर दिवंक नाशिल्ल्यान हाजीर आशिल्ल्या शेतकारांनी नाराजगी उक्तायली. राज्यांतल्या दुदाच्या उत्पादनाचेर वायट परिणाम जावपाक लागल्यात अशा समस्यांचर आनी शेतकारांच्या कायदेशीर मागण्यांचेर सरकार दुर्लक्ष करता अशें हाजीर आशिल्ल्या दुग्ध शेतकारांनी सांगलें.

हे बसकेंत हाजीर आशिल्ले गोंय राज्य सहकारी दुद महासंघाचे श्री सुशांत गांवकार, पर्यवेक्षक श्रीमती अश्विनी फळ देसाय, गोंय राज्य पशुवैजकी आनी पशुवैजकी खात्याचे डॉ श्री रामा परब, शिरोडा विभाग पशुवैजकी अधिकारी बोरी-शिरोडाहाणी वाठारांतल्या दुग्ध शेतकारांनी विचारिल्ल्या प्रस्नांक समाधानकारक जापो दिल्यो आनी बेगीनांत बेगीन ही समस्या सोडोवपाचे आश्वासन दिले .
शिरोडा सहका दुदाचो वेवसाय संघटनेच्या सचीव श्री विष्णु नायक हांणी बसकेक येवकार दिवन वळख करून दिली आनी निमाणें सगळयांचे उपकार मानले.

राष्ट्रीय न्यायालयीन विज्ञान विद्यापीठ, गोंय कॅम्पस हांणी आयोजीत केल्ल्या येणावळ कर विभागाच्या तपास संचालनालयाच्या अधिकाऱ्यां खातीर डिजिटल फॉरेंसिकाचेर 5 दिसांच्या प्रशिक्षण कार्यावळीचें उक्तावण आयज एनएफएसयू गोवा कॅम्पस, कुर्टी फोंडा हांगा जाले .
ह्या कर्यावळीचे उक्तावण श्री. बिपिन कुमार उपाध्याय, आयआरएस, आयुक्त, सीजीएसटी,

गोंय.आणि डॉ.लोकेश चौहान,राष्ट्रीय न्यायालयीन विज्ञान विद्यापीठ डीन अकादमिकस हांच्या हस्तुकी जाले.
ह्या वेळार उलयतना बिपिन कुमार उपाध्याय हाणी सादी कर पद्दत आनी अंमलबजावणी खूब गरजेची आसा अशें म्हळे.तपास अधिकारी सदांच सृजनशील आनी तपास करपी मानसिकतेचो आसूंक जाय.क्रिप्टो चलन, कृत्रीमबुध्दीमत्ता ही नवी संकल्पना आनी अधिकाऱ्यांनी ती बेगीन शिकची अशें तानी म्हळे.बऱ्या तपासणेखातीर गुप्तचर वेवस्थेंत म्हायती एकठांय करप चड म्हत्वाचें. मागीर विश्लेशण करप लेगीत तितलेंच म्हत्वाचें अशें फुडें उलयतना सांगले.मानक संचालन प्रक्रिया आनी तपास प्रक्रिया तपास अधिकारीन चड पाळो दिवपाची गरज आसता अशें म्हळे.ह्या वेळार डॉ.लोकेश चौहान हाणी येवकराचे उलोवप केले आणि ह्या प्रशिक्षण कार्यावळीची माहिती दिली. ह्या वेळार तपास संचालनालयाच्या ३२ अधिकारयांनी ह्या प्रशिक्षण कार्यावळीत वाटो घेतलो.

१ सगळयां दिवचलकारांची ग्रामदेवता श्री शांतादुर्गा देवीचो वर्सुकी नवो सोमार उत्सव आयज 24 नोवेंबर दीस विंगड विंगड धार्मिक आणि सांस्कृतिक कार्यावळीनी साजरो जाता. हे निमतान गावकरवाडो हांगसर ग्रामस्थ गावकर मंडळी तशेच बाजारकार मंडळींच्या वतीन विगड विंगड धार्मिक, सांस्कृतिक कार्यावळींचें आयोजन केला . देवी शांतादुर्गा देवीची पालखी दिवचलच्या दरेक घरांक भेट दीतली. नवो सोमाराच्या निमित्तान युवा गायक कलाकार राजयोग धुरी आनी हेर गायक कलाकारांच्या गायनाची मैफल जातली. फाल्या 25 नोवेंबर दीस उत्सवाची सांगता जातली.

2)मये मतदारसंघातल्या चिमूलवाडा मयेत नवीन रस्त्याच्या हॉट मिक्सिंग कामाचो शुभारंभ मयेचे थळावे आमदार प्रेमेंद शेट हांच्या हस्तुकी आयज जालो.या वेळार जिल्हो पंचायत वांगडी शंकर चोडणकर ,मये ग्रामपंचायत सरपंच श्री वासुदेव गावकर आनी हेर मानेस्त हजर आसले. आपल्या मये मतदारसंघाक गोंयातलो एक आदर्श मतदारसंघ करपाखातीर आमदार या नात्यात आपुण सदांच बंदील आसतलो अशें मत आमदार प्रेमेंद शेट हाणीं उक्तायलें. जिल्हा पंचायत वांगडी शंकर चोडणकर हाणीं मतदारसंघाच्या सर्वांगी उत्तरगतीखातीर जिल्हा पंचायत वांगडी या नात्यान आपुण आमदार प्रेमेंद्र शेट हांच्या आदारांन सदाच वावुरला आनी मुखार लेगीत वावुरतलो अशें सांगले.

3)दिवचल नगरपालिका वाटारात भायलीपेठ या प्रभागात उदरगत कामांचो बुनीयादी फातर बोसोवपाचो सुवाळो हालीच जालो. या सोहळ्याक दिवचल मतदारसंघाचे आमदार चंद्रकांत शेटये, दिवचल नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर, थळावो नगरसेवक अनिकेत चणेकर उपनगराध्यक्ष दीपा पळ आनी हेर मानेस्त हजर आसले.भायलीपेठ हांगसर फूटपाथ, गटार तशेंच हेर उदरगतीच्या कामांचो बुनयादी फातर आमदारांवर बसयलो. दिवचल मतदारसंघाक उदर्गतीचे बाबतीत गोंयातलो एक आदर्श मतदारसंघ करपाखातीर आपुण आमदार यां नात्यान कटिबद्ध अशें मत आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हाणीं उक्तायलें.

राष्ट्रीय आयोगान देशभरांतल्या संकश्टांतल्या बायलांक बेगोंबेग मदत दिवपा हेतान बायलां खातीर नवो हेल्पलायन क्रमांक - 1 4 4 9 0 - सुरू केला. टोल फ्री क्रमांक आयोगाच्या सद्याच्या हेल्पलायनी कडेन जोडिल्लो सोपो रिकॉल शॉर्ट कोड म्हणून काम करता, जाका लागून बायलांक कसलोच कळाव करिनासतना मदत मागपाक मेळटा अशें आयोगान निवेदनांत म्हणलां. हिंसाचार, त्रास वा खंयच्याय प्रकारच्या संकश्टाक तोंड दिवपी बायलांक बेगोबेग मदत दिवपाखातीर राष्ट्रीय बायलां आयोगाच्या चालू यत्नांक नव्या हेल्पलायन क्रमांकान बळगें मेळटले .

भारतीय संविधानाचो स्विकार केल्ल्याच्या उगडासाक दर वर्सा 26 नोव्हेंबर दिसा संविधान दीस मनयतात. संविधान द िसा सगळीं सरकारी कार्यालयां, स्वायत्त संस्थां, शिक्षणीक संस्थां सयत संघटना आनी संस्थांनी संविधान उद्देशिकेचे वाचन करतात आनी संविधानाच्या तत्वांक पाळो दिवपाचो संकल्प करतात. ह्यावर्सा दिसा संविधान दीसाची कार्यवळ 26 नोव्हेंबराक सकाळी 11.00 वराचेर पर्वरे सचिवालयांत आयोजीत केला . ह्या वेळार मुख्य सचीव भारतीय संविधान उद्देशिकेचे वाचन करतले.

तशेंच सगळीं सरकारी कार्यालयां, स्वायत्त संस्थां, म्हामंडळांच्या कार्यालयांनी सकाळी 11.00 वराचेर संविधान उद्देशिकेचे वाचन करपाची विनंती केल्या.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान ३३.५ औंश सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणे तापमान ३३.६ औंश सेल्सिअस नोंद जाला.फुडले काय दिस राज्य त हवामान सुकें उरपा संयत सकाळींच्या वेळार धुकें पाताळपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला .

पांचवे खेळो इंडिया विद्यापीठ खेळक  आयज राजस्थानांत सुरूवात जाली . देशभरांतल्या 230 विद्यापिठांतले सुमार पांच हजार विद्यार्थी-खेळगडे ह्या खेळां सर्तींत वांटो घेतात.